Panaji Regional 10th September 2025 7.25am

CM IIT -60

गोंयांतल्या लोकांनी इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी (आयआयटी) सारकिल्या राष्ट्रीय प्रकल्पांक “विरोध करपा खातीर” म्हूण विरोध करचो न्हय, पूण तांकां येवकार दिवचो अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल म्हणला. फोंडाच्या कोडार वाटारांत प्रस्तावीत आयआयटीक थळाव्या लोकांनी विरोध केल्ल्यान ते प्रतिक्रिया दिताले. शंबर टक्के साक्षर राज्य म्हूण गोंयांत राज्यांतल्या भुरग्यांच्या फुडारा कडेन लक्ष केंद्रीत करून फुडें पळोवपी मानसिकताय आसपाक जाय अशें मुखेलमंत्री सावंत हांणी म्हणला. आयआयटीचो गोंयांक लाव जातलो. राज्यांतले १० ते १२ विद्यार्थी आयज तरेकवार आयआयटींत शिक्षण घेतात, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयआयटीक तेको दितना सांगलें.

---

Lokayukta - 55

लोकायुक्तांची नेमणूक बेगीनूच जातली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.पर्वरे  मंत्रालयात पत्रकार परिशदेत ते उलयतालें. अंबादास जोशी हांचो कार्यकाळ फाटल्या डिसेंबरात सोपिल्लो. ताचे उपरांत 9 म्हयने हे पद रितें  आसा. लोकायुक्त पदा खातीर सरकारान नावा मागोपाची प्रक्रीया सुरू केल्या. आता मेरेन निवृत्त न्यायाधीशांची तीन नावां आयल्यात. उच्च न्यायालय तशेच सर्वोच्च न्यायालयाच्या निवृत्त न्यायाधीशांची आनीक नावा मागयल्या.

---

CM Seva pakhwada –120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो 17 संप्टेंबराक वाढदीस. हे फांटभुयेर 17 september - 2 october ह्या काळात भारतीय जनता पार्टीन देशभर सेवा पकवाडा कार्यावळीचे आयोजन केला.गोंयात लेगीत सेवा पकवाडाच्या फांटभुयेर केंद्र तशेंच राज्य सरकाराच्यो येवजण्यो लोकामेरेन पाववप,तशेंच स्वच्छता मोहीम,पर्यावरण संवर्धनाची कार्यावळ,  बायला आनी तरणाट्याच्या सक्षमीकरणाच्यो कार्यावळी तशेंच हेर सामाजीक कार्यावळींचे आयोजन केला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

ह्या उपक्रमाची पयली उक्तावणाची कार्यावळ पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकार सभाघरात जातली.कला अकादमी ग्रामीण विकास यंत्रणा तशेंच गोंय म्हायती आनी प्रसिध्दी संचालनालयाच्या जोडपालवान जावपी ह्या कार्यावळीत गोंय राज्यातल्या आप मजत गटाच्या बायलांक 60 कोटी रूपयाची अर्थिक मजत दीवपाची कार्यावळ जातली. जाल्यार समारोपाची कार्यावळ खांडोळा हाॅस्टेलात जातली.गोंयात जावपी सेवा पखवाडा कार्यावळीवीशीची म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.

---

Digambar Kamat – 70

भौशीक बांदकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी काल मडगांवच्या रविंद्र भवनांत चालू आशिल्ल्या दुरुस्तीच्या कामाची पळोवणी केली. हे काम ३० ऑक्टोबर मेरेन पुराय जातले अशें ताणी सांगले. ताणी मुखेल सभाघर, तशेंच ब्लॅक बॉक्सच्या कामाची तपासणी केली. दुरुस्तीचें काम वेळापत्रका प्रमाण चलता आनी कामाचो दर्जोय बरो आसा, अशे उपरांत पत्रकारां कडेन उलयतना कामत हांणी सांगलें. हें काम 30 ऑक्टोबर पयलीं पुराय जातलें, ताचे आदीं दोन दीस कामाची चांचणी जातली अशेंय कामत हांणी सांगलें.

---

Sushant – 35

सासष्टी तालुक्यात आसपावपी पारोडा पंचायतीच्यो सरपंच पावलीना फर्नांडीस आनी उपसरपंच शैलेश जोतकार हांचे आड हे पंचायतीच्या चार पंच वांगड्यांनी अविस्वास थाराव दाखल केला. हे संबंदी काल सासाश्टी गट उदरगत अधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत नोटीस सादर केली.

---

Weather – 20

गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांत चड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 25 degrees celcius इतले आसतले.

---

Sports – 35

वेर्णाच्या फादर आग्नेल मलतीपरपोसे उच्च माध्यमिक विध्यालयान निमाण्या मॅचीत म्हापशेच्या सेंट झेविर्स उच्च माध्यमिक विध्यालयाक ३-० फरकान हारोवन

राज्य पावंड्यावेल्या सुब्रोतो कप फुटबॉल सर्तीचे वस्तादपण मेळयला. हो खेळ मंगळारा सांत क्रूज फुटबॉल मैदानार जालो.